भागेवंत देवा–मातेची दबाजीक परोब (३१.१२.२०२० /०१.०१.२०२१)

**विषयः** वाखाण्णी करीत .... परत गेले

**सुरवातेची उतरा** : प्रितिच्या भावा–भयणिंनो, आयज आमी नव्या वरसांत भितर सरतांव. देवाच्या हातांतल्यान आमका फावो नासताना आनीक एक वरस एक फुंक्या देणे कशे मेळला. आयच्या दिसाचो विषय : "वाखाण्णी करीत .... परत गेले."

सोडवणेच्या इतिहासांत देवान आपले परजे सवे जायती व्होड अजापां केल्यांत. ह्या व्होड विझमितां मदे, देवान मनशाकुळा सवे एक व्होड विझमित केले. ते म्हणल्यार, मारियेक आपल्या एकल्याच पूताची आवय जावंक विंचुन काडली. मारिया, देवाची माता, हि परोब आयज आमची आख्खी पवित्र सभा समरंभता आनी वरसाचे सुरवातेकुच तिका एक नमुनो आनी आसकरणी कशी आमका दिता. कित्याक तिणे आपल्या जिवितांत देवाची सदांच खुशी केली. ताच्या उतराक ती खालती जाली आनी दर एके घडयेंत देवाचे बरेपण पळेवन, वाखाण्णी करीत रावली. आमच्या जिवितांत, देवान केल्ल्या सोगळया देण्या पासोत ताका वाखाण्णुयां आनी आमचे जिवित, एक जिवे वाखाण्णेचे गीत, मारिये भाशेन करुंक, आदार मागुयां.

**भावार्थ्यांची मागणीः**

**याज्ञिक** : भावा–भयणींनो, देवाच्या आशीर्वादाची आमका निबेल गरज. ताच्या आशीर्वादा विरेंत आमच्यांनी कायुच करुंक जायना. पवित्र ओत्म्याच्या बळान आमची मागणी बापाक उभारुयां.

१. सर्गीच्या बापा,आमच्या पवित्र सभेच्या वडिलांनी, मारीयेची देख घेवन, आपल्या हातांत घातलोले परजेक दिसा–दिस्पोटी मागण्याच्या जिविता वरवी देवाक नमस्कार करुंक आनी वाखाण्णेची परजा घडून हाडूंक पवित्र ओत्म्याचो उजवाड आनी बळ दी म्हण मागतांव.
२. दयाळ बापा ,आमच्या सरकारी वडिलांनी , दर–एका नागरिकाक आपल्या अंतस्करणा परमाणे देवाक भजुंक सोगळे सोंपेपण दिवन, आनी आमचो देस देवा आनी पेल्याच्या मोगान भरलोलो जावंक पावूंक तुजी कुर्पा आमा सर्वांचेर ओत म्हण मागतांव
३. बापा, आमचे घराबे धिनवासणेची मंदिरां जावन, आवय–बापुय–भुर्ग्यां मदे उपकारी मन अदिक वाडूंक आनी आख्खो घराबो तुज्या मोगाचो आनी खुशे परमाणे चलतलो जावंक आमकां फावो कर म्हण मागतांव.
४. कोष्टोवतेल्या कुटुंबानी, मारीयेक आपलो नमूनो धरुन, जेजूच आपल्या कुटुंबिक जिविताचो धीर–आधार म्हण मानून घेवन, कोष्टां वेळार पासून जेजूक आपणावंक तुजे बळ असल्या कुटुंबांक दी म्हण मागतांव.
५. दयाळ बापा, हि कोविड –१९ पिडा वेगींच संपोन, आनी तुजो आशीर्वाद दोतोर, नर्सी आनी भलायके वावराडी हांचेर भरपूर पडो म्हण आनी हे नवे वरस आमका सोगळयांक कुर्पेचे जाव म्हण बापा, तुजे लागी मागतांव

**(फिरगोज लोकांच्या इतर गरजां पासोत मागात)**

**याज्ञिक** : सर्गीच्या बापा, ह्या नव्या वरसा, आमच्या कुटुंबानी फावो तसले क्रिस्ती वातावरण निर्माण कर आनी हे वरवी क्रिस्ताकुच आमी परगटूंक तुजी शक्ती आमका दी. हे आमी मागतांव, तुज्या पूता जेजू क्रिस्ता वरवी. आमेन.

## सोमया जेजूचे आप परगटणेची परोब (०३.०१.२०२१)

### विषयः जुदेवांचो राजा खुय आसा ?

**सुरवातेची उतरा :** प्रितिच्या भावा— भयणांनो, पातकाक लागोन मनीस पातकाच्या काळोकांत गुस्पोटलोलो, वेळ—काळ भरल्या उपरांत देवान आपल्याच पूताक संसारांत धाडलो. हि परोब थोडयाच दिसा आदी आमी समरंभल्या. आयज जेदना सोमया जेजूची आप—परगटणेची दबाजीक परोब आमी समरंभतांव तेदना तोच जेजू आपूण जिविताचो खरो उजवाड कसो सोगळया परजांक परजळता. हो व्होड गुट आमी आज जेदना समरंभतांव, तेदना आमी दर—एक्ली हे सोत ओळखुंक आनी ताचेच वाटेन चलौक ह्या मिसा बलिदानांत खतखत्यान मागूयां.

पयले वाचोप : *इजा : ६० : १ ते ६*<br>
स्तोत्र : ७१<br>
दुसरे वाचोप : इफेज ३: २ ते ३ए, ५ ते ६<br>
शुभवर्तमान : मातेव : २ : १ ते १२

**भावार्थ्यांची मागणीः**

**याज्ञिक :** भावार्थ्यांनो, देवा मुखार सरपटून, ताका नमस्कार करुयां आनी आमच्या जिविताची भांडारां उगडून, काळजांतली किरकोळ देणी, मागण्या रुपान, जेजूच्या नांवान, बापाक समर्पुयां.

१. दयाळ बापा, फ्रान्सीस आमच्या पाप सायबान, ऑल्विन आमच्या गवळी बापान आनी आमच्या येरा ओत्मीक फुढाऱ्यांनी, क्रिस्ताचे गुट अदिक खोलायेन समजूंक आनी समरंभुंक आनी तांचो अर्थ आमी समजणी सादया उतरांतल्यान भावार्थ्यांक शिकोवंक तांका तुज्याच कुर्पेचो उजवाड आनी आदार फावो कर म्हण मागतांव.

२. बापा, आमच्या सरकारी फुढाऱ्यांनी, आपल्यो पदव्यो संबाळपाचो आप—स्वार्थ पाटीं दवरुन, परजेचो, खेरीत भाशेन, दुर्बळांचो, तोरणाटयांचो आनी सृष्टीचे उदरगती पासोत वावरुंक, तांका तुज्या पवित्र ओत्म्याचे मार्गदर्शन दि म्हण मागतांव.

३. बापा, हे वेदि भंवतोणी एकठांय जाल्या आमा समेस्तांनी, ह्या नव्या वरसांत पावल मारताना, क्रिस्ताच्या परजळान भरोन, चिंतनानी, उतरांनी आनी करण्यांनी, ताचे नीज गवाय जावंक, आमका तुजो आदार दी म्हण मागतांव.

४. बापा, तू आमका जिनसा भासानी आपोयत आसाय. तुजो उलो समजून आमीय तुका नमस्कार करुंक आनी आमच्याच जिविताचे तुका एक दान करुंक, आमका तुजोच आधार दी म्हण मागतांव.

५. ह्या पवित्र वरसांत भायलो गोण—गोण पयस करुन, आमी सोगळयानी आमका पातकाक ओडतात तसल्यो ताळण्यो सोडून दिवंक आनी तू काकूतसार तसो आमी काकूतिची साक्षीदारा कशी जावंक आमका कुर्पा आनी बळ दी म्हण तुजेलागी मागताव.

**(फिरगोज लोकांच्या इतर गरजां पासोत मागात)**

**याज्ञिकः** प्रितिवंत बापा, आयज तुका भेटोवंक भांगार, धुंप आनी गंधरस घेवन आमी येवंक नांत, पूण उंडया—सोऱ्याच्या दाना बराबर, आमची किर्कोळ मागणी हे वेदीचेर आमी दवरतांव. आमच्या मागण्याचेर तुजी दयाळ दीष्ट घाल आनी ह्या नव्या वरसांत भितर सरताना आमचे जिवित तुज्या आशीर्वादान भर. हे आमी मागतांव क्रिस्ता आमच्या सोमया वरवी. आमेन

# सोमया जेजूच्या स्नानाची परोब (१०.०१.२०२१)

## विषय :*तुजेर मोजे धादोसपण आसा*

**सुरवातेची उतरा :** प्रितिच्या भावा– भयणिंनो, आयज पवित्र सभा, जेजूच्या स्नानाची परोब समरंभता. आयच्या सेवधर्माचो विषय : “तुजेर मोजे धादोसपण आसा.” हि उतरां बाप, आपल्या पूता जेजू विशी, ताच्या पवित्र स्नाना दिसा उदगारता. बापाचे धादोसपण जावन आसा ताचो आपुरबायेचो पूत जेजू. हेच आपल्या बापाचे धादोसपण, जेजून आपल्या वावरांतल्यान आनी आपल्या जिविताच्या दयाळ–मोवाळ करण्यांतल्यान, खुरसार मरो पर्यान सांबाळले आनी जियेलो. आमीय दर–एक्ली आमच्या पवित्र–स्नाना दिसा थावन देवा बापाक धादोसपण हाडतोली पूत–धुवो जावंक, ह्या पवित्र मिसाच्या बलिदानांत्ल्यान आमका बापाची कुर्पा मागूयां.

पयले वाचोप : *इजा : ५५ : १ ते ११*<br>
स्तोत्र : इजा १२: २ ते ३, ४बी, सी, डि, ५, ६<br>
दूसरे वाचोप : १ जॉन ५ : १ते ९<br>
शुभवर्तमान : मार्क : १ : ७ ते ११

**भावार्थ्यांची मागणीः**

**याज्ञिक :** प्रितीच्या भावा–भयणींनो, आमी देवाचे आपुरबायेची भुरगी म्हण ओळखुन घेवन, ह्या वेळार आमची मागणी आमच्या मोगाळ बापाशीं उभारुयां.

१. सर्गींच्या बापा, आमच्या पवित्र सभेच्या फुढाऱ्यांनी, तुवेन दिल्ले आपूरबायेचे आपोवणे आपल्या जिवितांतल्यान जियेवंक, आनी दुसऱ्यांक ताचे आपोवणे आपूरबायेन जियेवंक आपलो अदार आनी सहकार दिवंक, तांका तुजो आदार फावो कर म्हण मागतांव.

२. दयाळ बापा ,आमच्या सरकारी फुढाऱ्यांनी, आपलो वावर सगळया धादोसपणान करुंक, आनी रात–दीस आपले परजे पासात इकमतीन वावरुंक, तांका तुजीच जाणवाय दी म्हण मागतांव.

३. बापा, आमी जण एक्ली तुजे धादोसपण आसलोली तुजी आपूरबायेची भुरगी, तुवेन आमच्या हातांनी घातलोलो धर्मपरगटणेचो वावर खालतीकायेन आनी जबाबदारेन करुंक, तुजेंच काळीज आमचे थांय रच म्हण मागतांव.

४. आमचो क्रिस्ती धर्म सोडून गेल्ल्या आमच्या भावां–भयणींचे काळीज–मन उजवाडाय म्हण, आनी तुजी कुर्पा आपल्या जिवितांत अनुभवून ती परत आमच्या धर्मांत येवंक तुजीच जाणवाय आनी बुद तांका दी म्हण मागतांव.

**(फिरगोज लोकांच्या इतर गरजां पासोत मागात)**

**याज्ञिक :** सर्गींच्या मोगाळ बापा, आमी जण एक्ली तुजे धादोसिपण म्हण ओळखुन घेवन, तुजेरुच भावार्थ दवरुन हि मागणी तुका आमी उभार्ल्यांत, ती आमका फावो कर म्हण आमी मागतांव, क्रिस्ता आमच्या सोमया वरवी. आमेन.

## सादया काळाचो दुसरो आयतार (१७.०१.२१)
## विषयः येयात आनी पळेयात

**सुरवातेचीं उतरां** : मोगाळ भावा–भयणींनो, आमका सोगळयांक देव आपोयता, वेग–वेगळे तरेन, वेग–वेगळे सुवातेर, वेग–वेगळया मनशा वरवी; आनी आयचो सेवाधर्म आमका हो देवाचो उलो ओळखुन, जिवितान ह्या उल्याक पाळो दिवंक आपोयता. हे आपोवणे तर आमी पाळतोल्यांव जाल्यार, आमका आमचे सदांचे, समाधानी जिवित सोडून, नवे मन आपणावंक गरज. देवाच्या ह्या उल्याक सोबता तसले जिवित जियेवंक आमका दर–एकल्याक हे मिसाचे भेटेंत कुर्मा आनी बळ मागूयां.

पयले वाचोप : १ सामुयेल : ३ः ३ बी ते १०, १९
स्तोत्र : नं : ४०
दूसरे वाचोप : १ कोरी : ६ः १३सी ते १५ अ, १७ ते २०
शुभवर्तमान : जुवांव :१ : ३५ ते ४२

**भावार्थ्यांची मागणी**

**याज्ञिक** : बावतिज्मा वरवी, जेजून दर–एकल्याक आमका कार्य दिलोले आसा. आमका दर–एकल्याक गवळी, प्रवादी आनी याज्ञिक नेमल्यात. हे कार्य आमी जबाबदारेन आनी विस्वाशीपणी पाळूंक थोडिंच आमची मागणी देवा मुखार घालूयां.

१. सर्गीच्या बापा, आमच्या धार्मीक फुढाऱ्यांनी, तुज्या अपोवण्याक पाळो दिवन, देखीचे जिवित जियेवंक, तांका तुज्या कुर्मेच्या देण्यांनी भर म्हण मागतांव.

२. आमच्या सरकारी फुढाऱ्यांनी, अपली जबाबदारी ओळखुन घेवन, निती आनी शांती खातीर वावरुंक आनी अदिक करुन ह्या महामारी पिडे समयार, लोकांक फावो त्यो सवलोत्यो दिवंक, सेवेचे मन तांचे थांय रच म्हण मागतांव.

३. मोगाळ बापा, आमच्या सुपुर्ल्या भुग्र्यांनी आपल्या वडिलां सवे तुजो रुपकार पळेवन, ती जे कित्ते सांगतात ते आयकुंक, तांका तुजी कुर्मा फावो कर म्हण मागतांव.

४. दयाळ बापा, आमची तोरणाटी आयज–काल जायते *'फॅशन'* आनी *'स्टायल्स'* आपणायतात. अशे करताना, तांच्यांनी अपल्या कुडिचे निर्मळपण सांबाळूंक, तांका तुजेच जाणवायेन आनी कुर्मेन भर म्हण मागतांव.

५. काकूतसारा बापा, कित्लीच आमची भावा–भयणां, कोविड–१९ ह्या रोगाक लागोन कोष्ट सोसतात. जायती जणा मरोन गेल्यांत. तांच्या ओत्म्याक सासणाची शांती मागताना, पिडेंत असलोल्यांक वेगीनुच पेकोवणी फावो कर म्हण मागतांव.

*(फिरगोज लोकांच्या इतर गरजां पासोत मागात)*

**याज्ञिक** : सर्वेस्परा, आमच्या बावतिज्मा वरवी दर–एकल्याक आमका त्रिपेट कार्यांत भितर काडल्यांत. आमी आमच्या ह्या अपोवण्याक विस्वाशी रावूंक आमका तुजे बळ फावो कर. क्रिस्ता आमच्या सोमया वरवी. आमेन.

*सूचनाः विषय परमाणे मिसाची गायांना घेवूंची.*

## साध्या काळाचो तिसरो आयतार (२४/०१/२०२१)

### <u>विषय</u> : जिवित बदलात आनी शुभवर्तमान सतमानून घेयात

### *पवित्र पुस्तकाच्या वावराक भेटयलोलो आयतार*

***<u>सुरवातेची उतरां</u> :*** प्रितिच्या भावा–भयणानो, आमी सादया काळाच्या तिसऱ्या आयताराक आसांव आनी आयज विश्व पवित्र सभा पवित्र पुस्तकाच्या वावराक भेटयलोलो आयतार समरंभता. सांत जेरोम, पवित्र पुस्तकाचो एक व्होड मोगी आनी जाणार आमका अशे म्हणता, "जाका पवित्र पुस्तकाची ओळोख ना, ताका क्रिस्ताची ओळोख ना...पवित्र पुस्तक थार घेयनासताना वाचात, ताका तुमच्या हातांतले केदिच खाला पडूंक दिव नाकात." क्रिस्ताक ओळखुंक आनी क्रिस्ताचे ओळखीन वाडोंक आमी पवित्र पुस्तक वाचुंक, नियाळूंक आनी जिवित बदलूंक भोव महत्वाचे आनी गरजेचे. आयचो सेवधर्माचो विषय आमका हेच दिशेन ओडून व्होरता : "जिवित बदलात आनी शुभवर्तमान सतमानून घेयात." जेजून ह्या उतरांनी आपलो भवशिक वावर सुरु केलो, आनी सोगळयांक जिवित बदलून, शुभवर्तमान मानून घेवंक आमंत्रण दिले. एक सुभामपणी आनी खुशाल जिवित जियेवंक, जिवित बदलून, शुभवर्तमान सतमानून घेवपाची गरज –हे आमचे सवे घडूंक पवित्र पुस्तक वाचपाची आनी व्यवारांत घालपाची आमी पावलां मारुंक जाय. ह्या मिसांत आमच्या काळजांत आपल्या उतराचो मोग घाल म्हण बापा लागी मागताना, पवित्र पुस्तकाच्या वावरांत मिसळ अशिल्यांक अशीर्वादान भर म्हण मागूयां.

पयले वाचोप : जोनास : ३: १ ते ५, १०<br>
स्तोत्र : नं : २५<br>
दूसरे वाचोप : १ कोरी : ७: २९ ते ३१<br>
शुभवर्तामान : मार्क १: १४ ते २०

### *भावार्थ्याची मागणी*

***याज्ञिक:*** मोगाळ भावा–भयणींनो, "काळ भरलो आनी देवाचे राज लागी पावलां, जिवित बदलात आनी शुभवर्तमान सतमानून घेयात." हो जेजूचो उलो मनांत दवरुन थोडयो आमच्यो कूडिच्यो आनी ओत्म्याच्यो गरजो बापा मुखार दवरुयां.

१. सर्गींच्या बापा, आमच्या पाप सायबान, बिस्पांनी आनी धार्मीक फुढाऱ्यांनी, तुज्या उतराच्या उजवाडान अपले जिवित दिसाच्या दिसाक नवसरुंक, आनी हे वरवी आपल्या खाला आसलोल्या परजेक नवसरणेची देख दिवंक, तांची मना उजवाडाय म्हण मागतांव.

२. आमच्या राजकारभाऱ्यांनी, परजेचे उदरगती पासोत वावूरताना, दुबळयांचो आनी गरजेवंतांचो अदिक हुस्को दवरुंक, तांका तुजी जाणवाय आनी बुद फावो कर म्हण मागतांव.

३. बापा, आमची जायती भावा–भयणां वेग–वेगळया परिस्तिथींत तुजे उतोर परगटूंक भारी वावूरतात. तांका हो वावर करता आसताना तुजे बळ आनी काळजीदारपण फावो कर म्हण मागतांव.

४. दयाळ बापा, आमच्या कुटुंबानी, आमी सगळयांनी शुभवर्तमान वाचून, ते मांदून घेवन आनी ते आपणावन आमचे जिवित आमी बदलूंक आमका तुजे उर्भेन भर म्हण मागतांव.

५. काकूलसार बापा, कोविड–१९ हे मारेकार पिडेक बली जाल्यांक पेकोवणी मागताना हे पिडेंतली आमकाय निवार म्हण मागतांव.

(फिरगोज लोकांच्या इतर गरजां पासोत मागात)

**याज्ञिक** : सर्वेस्परा देवा, तुज्या उतराच्या बळान आमचे जिवित बदलूंक आमका तू आमंत्रण करताय. हेच वाटेन तू आमका अदार कर, क्रिस्ता आमच्या सोमया वरवी. आमेन.

## साध्या काळाचो चवतो आयतार (३१/०१/२०२१)

**विषय : देवाचो भक्त.**

**सुरवातेची उतरा :** प्रितिच्या भावा— भयणिंनो, अडोल्फ हिटलर, जोसेफ स्टॅलिन, बेनिटो मुसोलिनि, सद्दाम हुसेन, आदि. हाणी आपली पदवी आनी अधिकार जबरदस्तेन आनी वायटपणान चलोयलो, जाल्यार, महात्मा गांधी, नेल्सन मंडेला, अब्राहाम लिंकन आदि. हाणी आपणाक फावो जालोले पदवे उदेशी, संसारांत शांती आनी एक्वट हाडूंक वावूरले. हे आमी इतिहासांत पळेतांव. देव सर्व पदवेदार, अधिकारान आपले परजे लागी उलोयता. जेजू क्रिस्त देवाचो पूत अधिकारान आनी पदवेन भरोन उलोयता आनी आपल्या करण्यां वरवी आपली उतरां थिर करता. तोच, "देवाचो भक्त" जिव्या देवाचो पूत, संसारी फुढाऱ्या भाशेन न्हुय पूण व्होडा बळान आनी शक्तेन बरी खबर परगटता. ताचे आयकुन आमच्या जिविताची पावलां मारुंक ह्या मिसाच्या बलिदानांत आमका कुर्पा मागूयां

पयले वाचोप : दुसरी समुर्थ : १८: १५ ते २०
स्तोत्र नं : ९५
दूसरे वाचोपः १ कोरी : ७ : ३२ ते ३५
शुभवर्तमान : मार्कः १ : २१बी ते २८

**भावार्थ्यांची मागणीः**

**याज्ञिक :** भावा— भयणिंनो, जेजू देवाचो भक्त, फुढाऱ्यांचो फुढारी; अधिकारान आनी पदवेन भरुन शिकोवपी आनी बरेपण हाडपी, ताच्याच नांवान आमची मागणी बापा मुखार घालूयां.

१. सर्गीच्या बापा, फ्रान्सीस आमच्या पाप सायबान, बिस्प सायबांनी आनी पाद्री—माद्रींनी, आपल्या हातांत घातलोले परजेचे बरेपण पळेवन, काळजीदारपणान समाजांत जातोल्या वायटाचेर आपलो ताळो उभारुंक तांका तुज्याच धैरान भर म्हण मागतांव.

२. आमच्या भारताच्या आनी महाराष्ट्राच्या सरकारान, समाजांत चलतोले वायट नपोयत करुन परजेक नितीन आनी सोतान चलोवंक आनी दर एका नागरीकाचो हक्क राखुंक तांका तुज्या जाणवायेन भर म्हण मागतांव.

३. दयाळ बापा , सोगळे क्रिस्ती परजेन आपूण देवाची आपूरबायेची भुरगी म्हण ओळखुन, तुजेर आपलो भावार्थ थिरावंक, आनी आपल्या जिवितांत येतोल्या अव्हानाक फुडो करुंक फावो तो धीर आनी काळजीदारपण तांका दी म्हण खालतीकायेन मागतांव.

४. दयाळ बापा, समाजाच्या वायटान गुस्पोलोल्या आमच्या भावा—भयणींनी, आपले जिवित बदलून, वायटाचो रस्तो सोडून, बरो रस्तो धरुंक तुजो दैविक उजवाड तांचेर फांकय म्हण मागतांव.

**(फिरगोज लोकांच्या इतर गरजां पासोत मागात)**

**याज्ञिक :** मोगाळ बापा, ह्यो आनी हेर आमच्यो गरजो तू शार्ती पावयतोलोय म्हण आमका तुजेर विस्वास आसा. ह्याच विस्वासान केल्ली मागणी तू स्वीकार कर. क्रिस्ता आमच्या सोमया वरवी. आमेन.